# हॉटेल/घरमालकांनी आपली गिरायकां, भाडेकारांची म्हायती नोंद करपाचो आदेश

ता. 15 जुलय 2025

दक्षीण गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान एका आदेशावरवीं दक्षीण गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापन, लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गॅस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, घर, इमारत, फ्लॅट मालक, तात्पुरती निवासाची वेवस्था करपी घरमालक आनी धार्मिक संस्थांनी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करपाक सागला. वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या हॉटेलात वा घरांत रावपाक दिवचे न्हय.

तशेंच मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती पुलीस खात्यान तयार केल्ल्या पथीक-PATHIK ह्या सॉफ्टवेरांत नोंद करपाक जाय. भाडेकारांची म्हायती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाची गरज आसा. मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध करची. तशेंच दक्षीण गोंयांतल्या सगळ्या राष्ट्रीयकृत बँकाच्या प्रमुखांनी आपल्या एटीएमांनी सुरक्षा रक्षक नेमपाक आनी सीसीटव्ही कॅमेरे लावपाक सांगला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/611

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.